पेडणें म्हाला खातीर मांद्रेंचे आमदार जीत आरोलकार हांणी केल्ले यत्न आनी सरकारा कडल्यान मेळपी सहकार्याक लागूनच मांद्रें मतदार संघातल्या तुयें वाठारांत भोवउद्देशी रवींद्र भवन रवींद्र भवन उबारपाची प्रक्रिया सुरू करतले. सगळे तरेच्यो सुविधा उपलब्ध करून, कलाकारांच्यो मागण्यो आयकून हांगा रवींद्र भवन उभारपाचे प्रक्रियेची सुरवात करतले, अशी गवाय कला आनी सांस्कृतीक मंत्री गोविंद गावडे हांणी पेडणें इंडोर स्टेडियमच्या लोकार्पण सुवाळ्या वेळार दिली. पेडणें म्हालांतल्या कलाकारांक तांच्या हक्काची माची उपलब्ध जावचे खातीर जायत्या वर्सां सावन कलाकार मागणी करतात. पेडणें म्हालान आमदार, मंत्री, खासदार, मुख्यमंत्री दिले. मात हो प्रस्न आजूनय सुटूंक ना. अंदू २०२५ वर्सा मांद्रें मतदार संघांतल्या तुयें पंचायत वाठारांत वट्ट ५० हजार चौरस मीटर सुवातेर रवींद्र भवन उबारपा खातीर मांद्रें आमदार जीत आरोलकार हांणी सरकार दरबाराचेर बरेच यत्न केल्यात. तांकां मंत्री गोविंद गावडे, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी १००% सहकार्य केल्ल्यान रवींद्र भवनाचो बुन्यादी फातर बेगीनूच उबारतले. हे खातीर आमदार आरोलकार हांच्या फुडारपणा खाला एक अस्थायी समितीचीय निवड केल्या. हातूंत सगळ्या कलाकारांचो आसपाव करतले. कलाकारांच्यो सुचवण्यो वाचून तांचे मागणे प्रमाण हे रवींद्र भवन उबारतले अशी गवाय मंत्री गावडे हांणी दिली.

राजभाशा अधिनेमाची अंमलबजावणी प्रशासनांत जातली जाल्यार देवनागरी टायपिंगाचें प्रशिक्षण घेवप खूब म्हत्वाचें थारता. राजभाशा संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या देवनागरी टायपिंग प्रशिक्षणाचो लाभ सरकारी कर्मचाऱ्यांक जातलोच, पूण प्रशासनांत राजभाशेची अंमलबाजवणी करूंक ताचो चड आदार जातलो, अशें विद्या प्रबोधिनी म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. भूषण भावे हांणी सांगलें. राजभाशा संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या देवनागरी टायपिंग प्रशिक्षणाच्या उक्तावण सुवाळ्या वेळार ते उलयताले.
संचालनालयान सरकारी कर्मचाऱ्यां खातीर तीन दिसांचें देवनागरी टायपिंग प्रशिक्षण पर्वरेच्या विद्या प्रबोधिनी म्हाविद्यालयांत आयोजीत केलां. 10 ते 12, 13, 14, 17 आनी 18 ते 20 फेब्रुवारी मेरेन तीन बॅचांनी तें दितले. ह्या प्रशिक्षणांचो लाभ सुमार 140 सरकारी कर्मचाऱ्यांक जातलो, अशें राजभाशा संचालक प्रशांत शिरोडकार हांणी सांगलें. कोंकणी, मराठी, हिन्दी ह्या भाशांनी टंकलेखन करूंक देवनागरी टायपिंगाची संवकळ सरकारी कर्मचाऱ्यांक जावची म्हणून हें प्रशिक्षण आयोजीत केलां अशें तांणी मुखार सांगलें.
देवनागरी टायपिंग प्रशिक्षणांत सॉफ्टवॅरांची वळख, इन्स्क्रिप्ट किबोर्डाची वळख तशेंच देवनागरी लिपयेची वळख, अक्षर वळख अश्या विशयांचेर वेग-वेगळीं सत्रां दवरल्यांत, अशें प्रशिक्षणाचे संयोजक आनी उपसंचालक अनिल सावंत हांणी सांगलें.
सुशांत नायक, उर्वशी नायक, जयेश राऊत आनी दिवाकर गुरव ह्या सहाय्यक प्राध्यापकांचीं विंगड विंगड सत्रां आयोजीत केल्यांत. प्रशिक्षणाचें सह-संयोजन स्नेहा सबनीस हांणी केलां.

गोयात उसाची पिकावळ घेवपी शेतकारांचे उस सरकिर वाकत घेतले संजीवनी साखर कारखान्यावरवी केंद्र सरकारान जो दर थारायला,ते प्रमाण उस विकत घेतले अशी म्हायती मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.सरकिर फकत उस वाकत घेतले मात उस पिकावळीची सगळी जवाबदारी शेतकारांची आसतली,ही पिकावळ घेवपाक सरकाराकडल्यान मजत मेळची ना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केला. हे विशीचे अधीसुचोवणी सरकार कांय दीसानी जारी करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

तशेंच घाणयारे उदक न्हंय वा सैमिक उदकाच्या स्तोत्रानी सोडुन ही स्तोत्रा दुशित करपी मनशांचेर वा आस्थापनांचेर हयानफुडे सरकार खर कारवाय करून तांका दंड दीतले अशीय शिटकावणी मुखेलमंत्र्यान दील्या.

वखदाचेर डीस्काउट दीता अशे सांगुन गिऱ्यायकांकक सोशल माध्यमावेल्यान वा जायरातीचे हेर माध्यमाचो उपेग करून भुरळ

घालपी फार्मसी वा नोंदणीकृत फार्मासिस्टांचेर कडक कारवाय करपाची शिटकावणी goa state pharmacy council दील्या.
वखदांचेर डीस्काउंट दीता म्हण सांगुन गिऱ्यायकाक आपल्याच फार्मसीतली वखदा घेवपाक आर्कशित करप म्हणल्यार pharmacy practice reulation 2015 आनी ाpharmacy act 1984 हे नेम मोडपाच्या बाबीन येता.ताका लागुन अशे करपी फार्मसिचेर कायदेशीरपणान परवाने रद्द करपाची किरवाय गरज पडल्यार करतले अशे pharmacy council कळीत केला.

पेडणें म्हाला खातीर मांद्रेंचे आमदार जीत आरोलकार हांणी केल्ले यत्न आनी सरकारा कडल्यान मेळपी सहकार्याक लागूनच मांद्रें मतदार संघातल्या तुयें वाठारांत भोवउद्देशी रवींद्र भवन रवींद्र भवन उबारपाची प्रक्रिया सुरू करतले. सगळे तरेच्यो सुविधा उपलब्ध करून, कलाकारांच्यो मागण्यो आयकून हांगा रवींद्र भवन उभारपाचे प्रक्रियेची सुरवात करतले, अशी गवाय कला आनी सांस्कृतीक मंत्री गोविंद गावडे हांणी पेडणें इंडोर स्टेडियमच्या लोकार्पण सुवाळ्या वेळार दिली.

पेडणें म्हालांतल्या कलाकारांक तांच्या हक्काची माची उपलब्ध जावचे खातीर जायत्या वर्सां सावन कलाकार मागणी करतात. पेडणें म्हालान आमदार, मंत्री, खासदार, मुख्यमंत्री दिले. मात हो प्रस्न आजूनय सुटूंक ना. अंदू २०२५ वर्सा मांद्रें मतदार संघांतल्या तुयें पंचायत वाठारांत वट्ट ५० हजार चौरस मीटर सुवातेर रवींद्र भवन उबारपा खातीर मांद्रें आमदार जीत आरोलकार हांणी सरकार दरबाराचेर बरेच यत्न केल्यात. तांकां मंत्री गोविंद गावडे, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी १००% सहकार्य केल्ल्यान रवींद्र भवनाचो बुन्यादी फातर बेगीनूच उबारतले. हे खातीर आमदार आरोलकार हांच्या फुडारपणा खाला एक अस्थायी समितीचीय निवड केल्या. हातूंत सगळ्या कलाकारांचो आसपाव करतले. कलाकारांच्यो सुचवण्यो वाचून तांचे मागणे प्रमाण हे रवींद्र भवन उबारतले अशी गवाय मंत्री गावडे हांणी दिली.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाच्या हस्तुकी आयज गोंय राज्य अमृतकाल शेतकी धोरण 2025 लाॅंच जाल्या. ही कार्यावळ पर्वरे मंत्रालयात जाली.

तंत्रगिन्यान ,नाविन्य,आनी सशोधनात्मक अभ्यासातल्यान शेती करपाच्या नदरेतल्यान शेतकारांक उर्बा दीवपाक ही येवजण सरकारान चालीक लायल्या अशी म्हायती मीखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार दीला, सेंद्रीय शेती, शेतकार कल्याण बोर्ड चालीक लावप,शेतकी जमीन विकपाक बंदी,गोंयच्या पुरण शेतांक पुर्नजिवित करप,आप मजत गटांक शेती करपाक खासा तरतुद,कीसान क्रेडीड कार्डाची मर्यादा वाडवप,रानटी जनावरापासत पिकावळीचे लुकसाण थांबोवपाक उपाययेवजण,agro toutism उर्बा दीवप ह्या सारखे महत्वाचे निर्णय ह्या धोरणावरवी राज्य सरकारान घेतला अशी म्हायती ह्यावेळार मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

हे शिवाय नाल्ल,काजु आनी आंब्याच्यापिकावळ वाडोवपाक संबंधीत केद्रीय बोर्डाच्या मजतीन गोयातुय संबंधित पिकावळ वाडोवपाच्या नदरूतल्यान ह्या धोरणावरवी निर्णय घेतील्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.ह्यावेळार शेतकी मंत्री रवी नायक तशेंच गोंय फलोत्पादन म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रेमेद्र शेट हाजीर आशिल्ले.

राजभाशा अधिनेमाची अंमलबजावणी प्रशासनांत जातली जाल्यार देवनागरी टायपिंगाचें प्रशिक्षण घेवप खूब म्हत्वाचें थारता. राजभाशा संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या देवनागरी टायपिंग प्रशिक्षणाचो लाभ सरकारी कर्मचाऱ्यांक जातलोच, पूण प्रशासनांत राजभाशेची अंमलबाजवणी करूंक ताचो चड आदार जातलो, अशें विद्या प्रबोधिनी म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. भूषण भावे हांणी सांगलें. राजभाशा संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या देवनागरी टायपिंग प्रशिक्षणाच्या उक्तावण सुवाळ्या वेळार ते उलयताले.

संचालनालयान सरकारी कर्मचाऱ्यां खातीर तीन दिसांचें देवनागरी टायपिंग प्रशिक्षण पर्वरेच्या विद्या प्रबोधिनी म्हाविद्यालयांत आयोजीत केलां. 10 ते 12, 13, 14, 17 आनी 18 ते 20 फेब्रुवारी मेरेन तीन बॅचांनी तें दितले. ह्या प्रशिक्षणांचो लाभ सुमार 140 सरकारी कर्मचाऱ्यांक जातलो, अशें राजभाशा संचालक प्रशांत शिरोडकार हांणी सांगलें. कोंकणी, मराठी, हिन्दी ह्या भाशांनी टंकलेखन करूंक देवनागरी टायपिंगाची संवकळ सरकारी कर्मचाऱ्यांक जावची म्हणून हें प्रशिक्षण आयोजीत केलां अशें तांणी मुखार सांगलें.

पयशे नाशिल्ल्यान वा भिरांतीक लागून 75 ते 80 मुंडकार हक्का खातीर खटले दाखल करपाक पळयनात. हाका लागून मुंडकार खटले सुटावे जाले तरी मुंडकारांचे प्रस्न सुटावे जावप कठीण आसा. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे मुंडकारांचे प्रस्न सुटावे करतले असो विस्वास मांद्रेंचे आमदार जीत आरोलकार हांणी उक्तायलो.
प्रुडंट मिडियाच्या हेड ऑन मुलाखतींत ते उलयताले. प्रुडंट मिडियाचे संपादक संचालक प्रमोद आचार्य हांणी तांची मुलाखत घेतली.
दर्यादेग वाठारांत मुंडकारांचे प्रश्न चड आसात. मांद्रें मतदारसंघात मुंडकारांची समस्या जटील आसा. भाटकार मुंबय वा दिल्लीत रावतात. मुंडकारां कडेन तांचो संपर्क येना. खटले दाखल जाले उपरांत ते आदोगादा वतीन खटले चलयतात. एनओसी मागची कशी आनी कोणा कडेन? असो प्रस्न येता. भाटकारान बिल्डराक जागो विकलो जाल्यार बावन्सर घालून तो मुंडकाराक काडपाचो यत्न करतात, अशी सध्या दर्यादेग वाठारातल्या मुंडकारांची स्थिती आसा. विधानसभेंत तशेंच हेर कडेन मुंडकारांच्या प्रस्नाचेर हांवें आवाज उठयला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मुंडकारांचे खटले निकालांत काडपाचे यत्न सुरू केल्यात. शेनवारा लेगीत मामलेदार सुनावण्यो घेवपाक लागल्यात. मुंडकार कायद्याची कार्यवाय जावन तांकां न्याय दिवपाची गरज आसा. हाचे खातीर कायदो लेगीत हातांत घेवपाची म्हजी तयारी आसा, अशें जीत आरोलकार हांणी सांगलें.
मुंडकारांचो प्रस्न आसू वा हेर प्रस्न आसू महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षान म्हाका केन्नाच तेंको दिवंक ना. बऱ्या कामा खातीर तोखणाय वा मार्गदर्शन लेगीत कोणे करूंक ना. विधानसभा वेंचणूक 2027 वर्सा जातली. तेन्नाच वेंचणूक लडोपा विशींचो निर्णय हांव घेतलों अशें तांणी सांगलें.
मोपा विमानतळाक लागून पेडणें म्हालाक लाव जाला तशें लुकसाणूय जालां.
विमानतळाक लागून रस्ते तशेच मुळाव्यो सुविधा तयार जाल्यात. मात जमीन विक्रीचें प्रमाण वाडलां. उदरगत जाय आसली तरी जमीन विक्री वा जमनीचे रुपांतरण व्हड प्रमाणांत जावपाक हांव दिवचो ना. मेगा प्रकल्पांक म्हजो विरोध आसतलो. जमीन रुपांतरणाचें प्रमाण वाडपाक जायना, अशी मागणी हांवें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे लागीं केल्या अशें आरोलकार हांणी सांगलें.

फाटल्या कांय दिसां सावन गोंयांत शींयाचें प्रमाण उणें जाल्या आनी गरमी वाडल्या. पणजे सोमारा चडांत चड तापमान 35.5 अंश सेल्सियस नोंद जालें. मुरगांवां चडांत चड तापमान 34.2 अंश सेल्सियस आशिल्लें. फुडले स दीस चडांत चड तापमान 34 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 22 डिग्री सेल्सियस आसतले, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला